# राष्ट्रीय अनुसुचीत जमाती आयोगान गोंयच्या एसटी समाजाचे प्रस्न समजून घेतले

ता. 30 ऑक्टोबर 2024

तीन दिसांच्या गोंय भेटीचेर आशिल्लें राष्ट्रीय अनुसुचीत जमाती आयोगाचे वांगडी श्री. जथोटू हुसेन हांणी गोंयांतले अनुसुचीत जमातीचे प्रतिनिधी आनी सरकारी अधिकाऱ्यांची भेट घेवन अनुसुचीत जमातीचे प्रस्न जाणून घेतले.

गोंयांतल्या अनुसुचीत जमातीच्या प्रतिनिधींनी आनी सरकारी अधिकाऱ्यांची आयोगाच्या वांगड्यांक अनुसुचीत जमातीचे प्रस्न आनी समस्यांची म्हायती दिली. थळाव्या लोकांचे प्रस्न जाणून घेतले उपरांत आयोगाच्या वांगड्यांनी अशें प्रस्न सोडोवपाक प्रधान्य दितले म्हणपाचे सांगलें. सरकारी नोकऱ्यांनी रोस्टर पद्दत लागू करप, राखीवता आनी हेर मुखेल प्रस्न आयोगाच्या नदरेक हाडून दिले.

श्री. जथोटू हुसेन हांणी आपूण गोंयच्या फुडल्या भेटीत आदिवासी समाज रावपी ग्रामीण वाठारांनी भेट दिवन त्या वाठारांतली म्हायती जाणून घेतलो, अशें तांणी सांगलें. जर एका गावांत 50 टक्के आदिवासी लोकसंख्या रावता आसत जाल्यार अशां गावांची म्हायती एकटाय करप म्हत्वाचे आसा, अशें तांणी सांगलें.

जथोटू हुसेन हांणी आयज हेडलॅण्ड वास्को हांगाच्या मुरगांव पोर्ट ऑथोरिटीच्या कचेरीक भेट दिवन मुरगांव पोर्ट ट्रस्ट आनी डॉक कामगार मंडळाच्या एससी/एसटी कर्मचारी संघटनेच्या प्रतिनिधीं वांगडा चर्चा केली. संघटनेचे अध्यक्ष प्रशांत पार्सेकर, नोविदादे पिंटो, अजीत गांवडे हांणी आयोगाक संघटनेच्या प्रस्नांची म्हायती दिवन निवेदन भेटयले.

उपरांत जथोटू हुसेन हांणी मुरगांव पोर्ट प्राधिकरणाच्या वेवस्थापना वांगडा बसका घेतली. जथोटू हुसेन हांच्या वांगडा आयोगाचे संचालक शंकर रेड्डी, गोंय एससी/एसटी आयोगाचे अध्यक्ष दीपक करमलकर, आदिवासी कल्याण खात्याचे संचालक दशरथ रेडकर आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

जथोटू हुसेन हांणी तीन दिसांच्या भेटीत अखिल भारत आदिवासी कर्मचारी महासंघाच्या गोंय विभागाचे अध्यक्ष उपासो गांवकार, गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळाचे अध्यक्ष आमदार श्री. गणेश गांवकार, आदले आमदार आनी एसटी वित्त म्हामंडळाचे अध्यक्ष श्री. वासुदेव मेंग गांवकार हांच्या वांगडा बसका घेवन आदिवासी समाजाविशींच्या प्रस्नांचेर चर्चा केली.

आयोगाच्या वांगड्यानी काल उत्तर आनी दक्षीण गोंय जिल्हाधिकाऱ्या वांगडा बसका घेवन आदिवासी समाजाच्या प्रस्नांचेर चर्चा केली. उपरांत तांणी काणकोण तालुक्यातल्या आमोणा हांगाच्या आश्रम शाळेक भेट दिली. तशेंच तांणी गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. रमेश तवडकर आनी कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांचीय भेट घेवन आदिवासी लोकांच्या विविध प्रस्नांचेर चर्चा केली.
म्हा /सप/ / विगां/ 2024/598 --

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.